NATIONAL ON 09.04.2026 @ 6.30

भारतीय लोकशायेक अधिक चैतन्यशील आणि सहभागी करपाक कायदेमंडळात बायलां खातीर आरक्षण ही काळाची गरज आसा अशे एका संपादकीय लेखात आपले विचार व्यक्त करताना प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी म्हणला. Byte newspaper. हे आरक्षण हाडपाक जावपी कसलोय कळाव अत्यंत दुर्दैवी थारतलो अशे ताणी म्हळे. बायला आरक्षणाक चालना दिवपी एका महत्त्वाच्या विधेयकार चर्चा करपाक आणि ते मंजूर करपाक या महिन्याच्या १६ तारखेक संसदेचे अधिवेशन आपयला. फाटल्या कितलेशाच दशकांपासून, आदल्या सरकारान लोकशाही संस्थांनी बायलांक त्यांचे हक्काचे स्थान दिवपाक वारंवार प्रयत्न केल्यात. समित्यो स्थापन केल्यो , विधेयकांचे मसुदे सादर केले, पुण ते केन्नाच प्रत्यक्षात आयले ना अशे ताणी म्हणले. Byte reserve भारताच्या लोकसंख्येत बायलांचो वाटो जवळपास अर्द आसा आणि राष्ट्रा खातीर त्यांचे योगदान प्रचंड आणि अमूल्य आसा अशे ताणी म्हळे बायलां खातीर आरक्षण हे देशभरातल्या कोट्यवधी बायलांच्या आकांक्षांचे प्रतिबिंब आसा आणि 'जेन्ना बायलांची प्रगती जाता, तेन्नाच समाजाची प्रगती जाता' या तत्वाची पुष्टी आसा.बायलांच्या योगदानार उजवाड घालुन ताणी म्हणले की, विज्ञान आणि तंत्रज्ञाना पासून ते उद्योजकते मेरेन, खेळापासून ते सशस्त्र दलां मेरेन आणि संगीतापासून ते कले मेरेन, प्रत्येक क्षेत्रात बायला देशाच्या प्रगतीत आघाडीर आसात. जेन्ना बायला प्रशासन आणि निर्णय प्रक्रियेत सहभागी जातात, तेन्ना ती आपले अणभव आणि अंतर्दृष्टी वांगडा हाडतात, ज्याकालागुन भौशिक चर्चा समृद्ध जाता आणि शासनाचो दर्जो सुधारता अशे ताणी म्हळे. पद्म पुरस्कार जैतिवंत गोयची सुटके झुजारी लिबिया लोबो सरदेसाय हाणी म्हणले की, हो उपक्रम बायलां खातीर निश्चितच एक संध थारतली. प्रसारमाध्यमाकडे उलयताना सरदेसाय हाणी म्हणले की, इतली प्रगती जावपाक २७ वर्सा लागली आणि त्याची अजुन पुराय अंमलबजावणी जाल्लीना, ही खेदाची बाब आसा. येवपी पिळग्याक हाचो फायदो जातलो अशी आशा त्यांनी व्यक्त केली. - लिबिया

कॉमनवेल्थ पार्लमेंटरी असोसिएशन इंडिया रीजन झोन VII परिषदेचे उक्ता आज गोयात लोकसभा अध्यक्ष ओम बिरला यांच्या हस्तुकी जाले, या सयत दोन दिसांच्या प्रादेशिक संसदीय बसकेक सुरुवात जाली. उक्तावण समारंभाक गोयचे मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत आणि गोवा विधानसभेचे अध्यक्ष गणेश गावकर हांचे सयत पश्चिम भारतातले ज्येष्ठ आमदार उपस्थित आशिल्ले. आंतर-संसदीय सहकार्य मजबूत करप आणि प्रमुख विकास मुद्द्यांर उपाय काढप हाचेर या परिषदेचो भर आसा. गोवा, महाराष्ट्र आणि गुजरात ह्या दर्यादेग राज्यांनी त्यांच्या आव्हानांक संधत बदलले आणि आज ही राज्यां सर्वाधिक जीडीपी दिवपी राज्य म्हणून वळख जाल्या अशे लोकसभा अध्यक्ष ओम बिरला हांणी उक्तावण केले उपरांत उलयताना म्हळे BYTE२०४७ मेरेन विकसित भारताचे ध्येय साध्य करपाक तरुण आमदारांच्या भूमिकेवेल्या सत्रान आज चर्चेक सुरुवात जातली,

आयुष मंत्रालय फाल्या नवी दिल्लीत जागतिक होमिओपॅथी दिस २०२६ मनयतले. या निमित्तान दोन दिसांच्या संवादात्मक मंचाचेय आयोजन करतले अशे मंत्रालयान सांगले. या मंचार प्रमुख धोरणकर्ते, संशोधक, व्यावसायिक आणि प्रतिनिधी एकठांय येतले अशेय मंत्रालयान नमूद केले.

बॅडमिंटन आशिया वस्तादपण दादले एकोडीच्या खेळात आयुष शेट्टीन उच्च मानांकित ची यू जेन हाका २१-१६, २१-१२ अशा सरळ सेटांनी पराभूत करून उपांत्यपूर्व फेरयेत प्रवेश केला.

भारतीय हवामान विभागान फाल्या आसाम आणि मेघालयात घोग्यांनी पावसाचो अंदाज दिला . हवामान संस्थेन फुडल्या दोन दि सां खातीर ओडिशा, उप-हिमालयीन पश्चिम बंगाल, सिक्कीम, जम्मू आणि काश्मीर, लडाख आणि ईशान्येकडच्या राज्यांनी गडगडा वांगडा विजेचो कडकडाट जावपाचो अदमास काडला . फाल्या दर्यादेग कर्नाटक, कोकण आणि गोयात उष्ण आनी दमट हवामान उरतले.